Panaji

Regional News

09/12/2025 1920 hrs

- आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी आदले गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान शेनवार ता. 13 डिसेंबर 2025 दिसा मिरामार हांगाच्या तांच्या स्मृती स्थळार कार्यक्रम जातलो.
- गोयच्या वेचणूकदारांनी सक्रियपाणान वाटो घेतील्यान सुमार ९९.९३% गणन अर्ज जमा जाल्यात
- महाराष्ट्र आणि गोयच्या कम्युनिकेशन अकाउंट्स कार्यालयांत आयज ९ डिसेंबराक पणजे संचार भवनात त्रैमासिक पेन्शन अदालत आयोजित केल्ली.
- भारतीय वेंचणूक आयोगान सचीव (महसूल) श्री संदीप जॅकीस (आयएएस) हांची सध्या चालू आशिल्ल्या विशेश मतदार वळेरी उजळणी काळात गोंय राज्या खातीर मतदार वळेरी निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्या.

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सहकार्यान स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ, बोरीच्या ग्रंथालय विभागान "स्मार्ट साधनां, स्मार्टर सेवा: ग्रंथालय संसाधन हाताळणी कार्यशाळा" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही कार्यशाळा 19 ते 20 जानेवारी 2026 दिसा पणजेच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या बहुउद्देशीय सभाघरत जातली.

म्हाविद्यालयाच्या अंतर्गत गुणवत्ता आश्वासन कक्ष (आयक्यूएसी) आनी ग्रंथालय आनी म्हायती विज्ञान विभागान आयोजीत केल्ल्या हे कार्यशाळेचो उद्देश म्हळयार ग्रंथालय वेवसायिकांक आधुनीक तंत्रीक कुशळटाय आनी अभिनव तंत्रां दिवन सज्ज करप, ग्रंथालय सेवा वाडोवप आनी सगळ्यांक सुलभ करप. मुखेल वक्ते डॉ.संगीत कौल आनी ह्या मळार हेर तज्ञांच्या मार्गदर्शना खाला हातमाग सत्रां कार्यशाळेंत आसतल्यो. मुखेल विशयांत कृत्रीम बुद्धी आदारीत वर्गीकरण प्रणाली, संस्था संग्रह, नदरेक अपंगत्व आशिल्ल्या वापरप्यां खातीर संगणक साक्षरताय उपाय, तशेंच समावेशक आनी वापरप्यांक सोंपें अशें लायब्ररी वातावरण तयार करपा खातीर उत्तम पद्दतींचो आस्पाव आसतलो.

पारंपारीक वाचनालय सेवा आनी डिजिटल युगाच्यो मागणी हांचे मदलो फरक भरपा खातीर ही कार्यशाळा तयार केल्या अशें कार्यशाळेची समन्वयक आनी कॉलेजीची ग्रंथालयीन श्रीमती . सोनिया मुकेश देसाय. हाणी म्हळा “आमचो हेत म्हणल्यार ग्रंथालयीन स्मार्ट साधनां सज्ज करप, जाका लागून तांकां सगळया वापरप्यांक हुशार, चड समावेशक सेवा दिवंक मेळटली.”

म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रा.अच्युत पेडनेकार हांणी ग्रंथालय वेवसायिकांक सक्रीयपणान वांटो घेवपाचें आवाहन केलें. "आयच्या नेटान बदलपी म्हायती संवसारांत, सतत शिकप गरजेचें. ही कार्यशाळा ग्रंथालय वेवसायिकांक तांची कुशळटाय अद्ययावत करपाक, आपलो वेवसाय वाडोवपाक आनी निमाणें आपल्या वापरप्यांक शक्य तितली बरी सेवा दिवपाक एक मोलादीक संद दिता. सगळया ग्रंथालयीन, शिक्षकांक आनी म्हायती वेवसायिकांक ह्या हातांतल्यान शिकपाच्या अणभवाचे पुराय फायदो घेवपाक हांव आवाहन करतां," अशें तांणी सांगलें.

- उदयाक येवपी वाचनालय तंत्रगिन्यानाचेर वेव्हारीक, हाताळणी सत्रां.
- खाशेल्या गरजेच्या वापरप्यांक आदार दिवपा खातीर रणनिती.
- संसाधन वेवस्थापन आनी वापरप्यांच्या संलग्नताये विशीं म्हायती.
- वेवसायीक आनी शिक्षणतज्ञां कडेन नेटवर्क करपाची संद.

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आनी इन गोवा अकादेमीन मेळून गोंयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर 25 फिल्म निर्मिती कार्यशाळा घडोवन हाडल्यात अशें इन गोवा अकादेमीचे प्राचार्य अनिल लाड हांणी सांगलें. कुर्टी-फोंडा हांगाच्या श्री अमेय उच्च माध्यमीक शाळेच्या मिडिया विद्यार्थ्यां खातीर आयोजीत केल्ल्या फिल्म निर्मिती कार्यशाळेच्या उक्तावण सुवाळयांत ते उलयताले. फिल्म निर्मिती क्षेत्रांत रोजगाराच्यो जायत्यो संदी आसात अशें तांणी स्पश्ट केलें. हे कार्यशाळेंत चाळीस विद्यार्थ्यांनी वांटो घेतला. पांच दिसांच्या हे कार्यशाळेंत संवाद बरोवप, कथा बरोवप , शुटींग, संपादन ह्या सगळया आंगांनी शिकयतले. आयचे पयलें

सत्र प्राचार्य अनिल लाड हांणी चलयले, जाल्यार सूरज नायक फाल्यां सावन हे कार्यशाळेंत सत्रांचें संचालन करतले.

उज्याची चवकशी

सुरू दंडाधिकाऱ्यांच्या फुडारपणा खाला स्थापन जाल्ले चौकशी समितीन उजो लागिल्ल्या बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाची पळोवणी करून सीसीटीव्ही फूटेजीचो डीव्हीआर ताब्यात घेतलो. डीव्हीआर मदल्या फूटेजीची फोरेन्सीक विज्ञान फाटो तपास करतले, अशी म्हायती चौकशी समितीचे अध्यक्ष आनी उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली. पुलीस, उजो पालोपी दळाचे जवान, क्लबात ते वेळार आशिल्ले लोक, कर्मचारी हांची चवकशी करून उज्याविशीची पुराय म्हायती जाणून घेतले. . क्लबाक लागिल्या उज्याची दंडाधिकाऱ्यामार्फत चवकशी करपाचे आदेश मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले उपरांत समिती स्थापन जाल्ल्याचो आदेश जारी जालो. आदेश जाले उपरांत चवकशी समितीच्या सगळया वांगड्यांनी क्लबाची पळोवणी करून चवकशेक सुरवात केली.

अंकीत यादव, उत्तर गोंय जिल्होधिकारी,टिकमसिंग वर्मा, दक्षिण गोवा पुलीस अधीक्षक आशुतोष आपटे, फोरेन्सीक सायन्स, संचालक आनी राजेंद्र हळदणकर, उपसंचालक, अग्शीशमन व आपत्कालीन सेवा हे वांगडी आसा.

दिवचल म्हालांत चार जिल्हो पंचायत मतदार संघात विंगड विंगड राजकीय पक्षांचे प्रचार कार्य सुरू जाला. दिवचल तालुक्यात पाळी, लाटंबार्शे ,मये तशेच कारापूर सर्वण या चार जिल्हो पंचायत मतदार संघातल्यान उमेदवारांनी आपापले उमेदवारी अर्ज भरपाक सुरुवात केल्या .भारतीय जनता पार्टी ,काँग्रेस, गोवा फॉरवर्ड, आम आदमी ,तशेच हेर राजकीय पक्षांनी आपापल्या पक्षांच्या उमेदवारांचो प्रचार नेटान सुरू केला. पाळी मतदारसंघात मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ,दिवचल मतदारसंघात दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये तशेच मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांच्या पुढारपणाखाला भाजपचो प्रचार सुरू आसा. तेच प्रमाण काँग्रेसचे साखळी मंडळ अध्यक्ष राजेश सावळ, दिवचले अजय प्रभूगावकर यांच्या

पुढारपणाखाला काँग्रेसचो प्रचारकार्य सुरू आसा .राजेश कळंगुटकर, संतोष कुमार सावंत हांच्या पुढारपणाखाला गोवा फॉरवर्ड या पार्टीचे प्रचारकार्य सुरू आसा.

साखळी नगरपालिका आनी योडा  हांचेमदीं रस्ताद आणि भटक्या कुत्र्यांचो बंदोबस्त करपाखातीर हालीच एक सामंजस्य करार जालो. साखळी नगरपालिका कार्यालयात जाल्या एका सुवाळयात साखळी पालिका आनी योडा हांचेमदीं हो करार जाला.हे वेळार साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू पोरोब, पालिकेचे मुख्याधिकारी श्रीपाद माजीक आनी योडा  संस्थेचे जाळवणदार हजर आसले.  नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणे सांगले की साखळी शहरातल्या रस्ताद आणि भिराकूळ कुत्र्यांच्या संख्येचेर आळाबंद हाडपाखातीर सुरुवातीच्या काळात काम करतले.भटक्या कुत्र्या मुक्त साखळी शहर स्थापन करपाखातीर नगरपालिका वाठारातल्या नागरिकांनी साखळी पालिकेक सहकार्य करचे .मुख्यमंत्री तशेच साखळीचे आमदार डॉक्टर प्रमोद सावंत यांच्या पुढारपणाखाला साखळी शहर दिसान दिस विकसित जायत आसा आनी त्यांच्याच मार्गदर्शनाखाला  भटक्या कुत्र्या मुक्त शहर करपाखातीर पुढाकार घेतला अशे नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणे सांगले.

रवींद्र भवन साखळी आनी सावरेश्वर दशावतार नाट्य मंडळ वेंगुर्ला यांचे वतीन श्री दत्त नवरात्र उत्सवानिमित्त क्षेत्र गाणगापूर या नाटकाचो प्रयोग हालीच साखळी रवींद्र भवन सभागृहात जालो. या नाट्यप्रयोगाक दिवचल आनी सत्तरी म्हालाटल्यान व्हड संखेन लोक हजर आसले.

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी आदले गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान शेनवार ता. 13 डिसेंबर 2025 दिसा  मिरामार हांगाच्या  तांच्या स्मृती स्थळार कार्यक्रम जातलो. सकाळी 10.00 वरांचेर  मिरामारच्या स्मृती स्थळार जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत  आनी हेर मानेस्त सर्गेस्त मनोहर पर्रीकराच्या उगडासाक आर्गां ओपतले.

भारतीय वेंचणूक आयोगान सचीव (महसूल) श्री संदीप जॅकीस (आयएएस) हांची सध्या चालू आशिल्ल्या विशेश मतदार वळेरी उजळणी काळात गोंय राज्या खातीर मतदार वळेरी निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्या.

मतदार वळेरी निरिक्षक सर्वसामान्य लोकांचे कसलेय दावे/प्रस्न आसल्यार ते स्विकारपा खातीर 18 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 10.30 वराचेर परिशद सभाघर, जिल्हाधिकारी कार्यालय, उत्तर गोंय पणजी हांगा उपलब्ध आसतले. तशेंच सर्वसामान्य लोक चेंबर क्रमांक 102, दुसरो माळो, सचिवालय, पर्वरी, बार्देस-गोंय, 403521 हांगा तांच्या कार्यालयांत मेळपाक शकतात वा फोन नं. 0832-2419411, 2419620 वयल्यानय मतदार वळेरी निरिक्षकां कडेन संपर्क करपाक शकतात.

गोयच्या वेचणूकदारांनी सक्रियपाणान वाटो घेतील्यान सुमार ९९.९३% गणन अर्ज जमा जाल्यात. आयज दनपरा ४:०० वारामेरेन ११,८४,२६० गणन अर्ज जमा केले, जे वत्त ११,८५,०३४ विद्यमान मतदारांपैकी ९९.९३% इतले आसा. ज्या मतदारांनी त्यांचे गणन अर्ज सादर करूना तेय बेगीनात बेगीन सादर करपाक शकता. अर्ज सादर करपाची निमणी तारीख ११/१२/२०२५ मेरेन वाडयल्या. वेचणूकदार मतदार पोर्टल, voters.eci.gov.in वेल्यान ऑनलाइन अर्ज सादर कररपाक शकता. महाराष्ट्र आणि गोयच्या कम्युनिकेशन अकाउंट्स कार्यालयांत आयज ९ डिसेंबराक पणजे संचार भवनात त्रैमासिक पेन्शन अदालत आयोजित केल्ली. महाराष्ट्र आणि गोयचे कम्युनिकेशन अकाउंट्स नियंत्रक डॉ. सतीश चंद्र झा ह्यांच्या अध्यक्षतेखाला ही अदालत जाली.

या अदालतीबद्दल उलयतना डॉ. झा हाणी म्हळे की, दूरसंचार फाटो आणि बीएसएनएलच्या निवृत्त कर्मचारी आणि कुटुंब निवृत्तीवेतनधारकांनी १६ पेन्शन कागाळी मांडल्या. "सत्र सुरू आसताना उपस्थित केलल्या सगळया कागळीचे निरsan ashe tani sangle.

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी आदले गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान शेनवार ता. 13 डिसेंबर 2025 दिसा मिरामार हांगाच्या तांच्या स्मृती स्थळार कार्यक्रम जातलो.

गोयच्या वेचणूकदारांनी सक्रियपाणान वाटो घेतील्यान सुमार ९९.९३% गणन अर्ज जमा जाल्यात

महाराष्ट्र आणि गोयच्या कम्युनिकेशन अकाउंट्स कार्यालयांत आयज ९ डिसेंबराक पणजे संचार भवनात त्रैमासिक पेन्शन अदालत आयोजित केल्ली.

भारतीय वेंचणूक आयोगान सचीव (महसूल) श्री संदीप जॅकीस (आयएएस) हांची सध्या चालू आशिल्ल्या विशेश मतदार वळेरी उजळणी काळात गोंय राज्या खातीर मतदार वळेरी निरिक्षक म्हणून नेमणूक केल्या.

साखळी नगरपालिका आनी योडा हांचेमदीं रस्ताद आणि भटक्या कुत्र्यांचो बंदोबस्त करपाखातीर हालीच एक सामंजस्य करार जालो.

गोंय सरकाराच्या उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या सहकार्यान स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळ, बोरीच्या ग्रंथालय विभागान "स्मार्ट साधनां, स्मार्टर सेवा: ग्रंथालय संसाधन हाताळणी कार्यशाळा" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्यशाळा घडोवन हाडल्या.

बर्च बाय रोमीओ लेनचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हे थायलंडात पळोन गेल्ल्यान तांचे आड पुलीसांनी रेड कॉर्नर नोटीस जारी केल्या. तशेच अजय गुप्ता आनी सुरींदर कुमार खोसला हे मेळोक नाशिल्ले कारणान तांचे आड लूक आऊट नोटीस जारी जाल्या. पुलीस उपम्हानिरीक्षक वर्षा शर्मा हांणी ही म्हायती दिली.

उपम्हानिरीक्षक वर्षा शर्मा हिणे हणजूण पुलीस ठाण्यात पत्रकार परिशद घेवन तपासाची म्हायती दिली. बर्च बाय रोमीओ लेनीक शनवारा राती लागिल्या उज्यात 25 जाणाक मरण आयिल्ले. हे घडणुकेचो गुन्याव नोंद जावन पुलीसांनी तपास सुरू केला. हणजूण पोलिसानी आता मेरेन क्लबाच्या 5 जाणाक अटक केल्या. दंडाधिकाऱ्यामार्फत घडणुकेची चवकशी सुरू आसा. सरकारान नायट क्लब्स, बार्रा, रेस्टॉरंटा हांचे सुरक्षा ऑडीटा खातीर समिती स्थापन केल्या. फुडाराक अशे प्रकार घडचे न्हय म्हूण उपाय येवजण्यो सुरू आसा.

बर्च बाय रोमीओ लेनचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हे थायलंडात पळोन गेल्ल्यान तांचे आड पुलीसांनी रेड कॉर्नर नोटीस जारी केल्या. तशेच अजय गुप्ता आनी सुरींदर कुमार खोसला हे मेळोक नाशिल्ले कारणान तांचे आड लूक आऊट नोटीस जारी जाल्या. पुलीस उपम्हानिरीक्षक वर्षा शर्मा हांणी ही म्हायती दिली.

उपम्हानिरीक्षक वर्षा शर्मा हिणे हणजूण पुलीस ठाण्यात पत्रकार परिशद घेवन तपासाची म्हायती दिली. बर्च बाय रोमीओ लेनीक शनवारा राती लागिल्या उज्यात 25 जाणाक मरण आयिल्ले. हे घडणुकेचो गुन्याव नोंद जावन पुलीसांनी तपास सुरू केला. हणजूण पोलिसानी आता मेरेन क्लबाच्या 5 जाणाक अटक केल्या. दंडाधिकाऱ्यामार्फत घडणुकेची चवकशी सुरू आसा. सरकारान नायट क्लब्स, बार्रा, रेस्टॉरंटा हांचे सुरक्षा ऑडीटा खातीर समिती स्थापन केल्या. फुडाराक अशे प्रकार घडचे न्हय म्हूण उपाय येवजण्यो सुरू आसा.